Panaji Regional 12th April 2026 7.25am

90

स्वतच्या भलायेकची कुयदात घेवन दुयेसापासत पयस रावप जण एकल्याच्या हातान आसा. आता डायलेसिस, गोडे मुत, मानसिक विकार, तशेंच हेर दुयेसांचे प्रमाण वाडला. हे सगळे स्वतच्या भलायकेकडेन आडनदर केल्यान जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. संसारीक होमियोपॅथी दिसाच्य कार्यावळीत ते उलयताले. Byte-cm

गोंयांत बेगीनुच आयुश खाते स्थापन करतले अशी म्हायती ह्यावेळरा मुखेलमंत्र्यान दिली. पर्यटन मळार वेलनेस टुरीझमाक आता खुप बरे दिस आयल्यात. गोंयच्या होमियोपॅथी शिक्षण घेतिल्या दोतोरांनी फुडलो पदव्युत्तर अभ्यास करचो अशेय आवाहन तांणी ह्यावेळार केले. ही कार्यावळ साखळे रविंद्र भवनात गोवा होमियोपॅथी कांऊंसिल आनी गोवा कामाक्षी देवी होमियोपॅथी म्हाविद्यालयाच्या जोडपालवान घडोवन हाडील्ली.

150

गोंय काजु महोत्सवात goa Deposit refund scheme ही कोयराचो विलो लावपाखातीरची यंत्रणा सध्या सगळ्यांचे आकर्षण थारला. कोयर माखनान घालो काय पयशे मेळटा हे पळोवन बऱ्याश्या जाणानी हे विशी उत्सुकता दाखयल्या. महोत्सवाच्या परीसरात थाटील्लया ह्या दालनात कोयराचो विलो कितल्या सोप्या पध्दतीन जांवक शकता, आनी तातुंल्यान पयशे तर मेळटाच, मात पर्यावरण लेगीत नितळ उरता म्हण ह्या दालनाक भेट दिल्लया लोकानी ह्यावेळार उलयतना प्रतिक्रिया दिल्या. गाँय सरकाराचे पर्यावरण आनी हवामान बदल खार्ते डीआरएस ही यंत्रणा चालीक लावपाचे आसा. पयल्या पावंड्यार सुरवेक गोंयची शारा आनी गावगिऱ्या वाठारात मेकुन 300 परस चड डी. आर.एस माखना चालीक लावपाचो प्रस्ताव सद्या सराकरान दवरला. काजु महोत्सवात सध्या डी. आर. एस ची दोन माखना कोयराचो विल्हो कसो लायतले तांची प्रात्याक्षिका दाखोवपाक स्थापन केल्यात. हे खेरीज हेण्ड हेल्ड मशिनांचो लेगीत ह्या दालनात आसपाव आसा. कोयर माखनान घालो काय पाच मिनटांभितर कोयराची वर्गवारी केल्या मोलाप्रमाण पयशे थेट कोयराचो विलो लावपाक आयिल्लया मनसांच्या यु.पी. आय खात्यार जमा जाता.

150

सध्या संवसारभर सेंद्रीय शेतकी उत्पादनांची मागणी वाडत आसा. गोंयांतलें ८० ते ९० टक्के काजू उत्पादन सेंद्रीय पद्दतीन जाता. हातूंत कसलेंच रसायन वापरनात. उत्पादकांनी हे संदीचो फायदो करुन घेवचो असो उलो सेंद्रीय काजू उत्पादक आग्नेल बार्रेटो हांणी केला. शेनवारा काजू महोत्सवांत जाल्ल्या तंत्रीक चर्चा सत्रांत ते उलयताले. ह्या वेळार शास्त्रज्ञ डॉ. ए आर देसाय, काजू उत्पादक विंदेश शिरोडकार, गाँय शेतकी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. सुरेश कुंकळकार हाजीर आशिल्लें. काजू महोत्सवाचे उक्तावण शुक्रारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. फाटल्या कांय वर्सांत संवसारभर कॅन्सरा सारकिल्ले असंससर्गजन्य दुर्येसां वाडत आसात. पिकांत रसायनीक साऱ्यांचो चड वापर जाल्ल्यान अशें जावं येता. निरोगी जिणे पद्धतीक आनी पोशक अन्नधान्याक संवसारभर प्राधान्य दितात. गोंयांतल्या सेंद्रीय काजू शेतकारांनी हाचो लाव घेवचो. तांणी आपल्या सेंद्रीय काजूची योग्य पध्दतीन मार्केटिंग केल्यार तांकां अर्थीक फायदो मेळटलो, अशें बार्रेटो हांणी सांगलें. सरकारान सेंद्रीय शेती कडेन वचपा खातीर धोरणा तयार करचीं. सेंद्रीय उत्पादनांक चड दर मेळपाक जाय, अशे डॉ. सुरेश कुंकळकार हाणी सांगले.

एलपीजी -30

गोयात पेट्रोल, डिझेल आणि एलपीजी ची उपलब्धता सध्याची मागणी पुराय करपाक फावती आशील्याची पुष्टी राज्यातल्या तेल विपणन कंपन्यांनी केल्या. भौशीक क्षेत्रातल्या तेल विपणन कंपन्यांचे राज्यस्तरी समन्वयक मधुरेंद्र के. पांडे हाणी ही माहिती दिली.

Weather – 50

शेनवारा पणजेचें चडांत चड तापमान 33.9अंश आनी उण्यांत उणें तापमान 25 अंश नोंद जालें. मुरगांवांत चडांत चड तापमान 34.9अंश आनी उण्यांत उणें 25 अंश उरलें. राज्यांत आज चडांत चड तापमान ३४ ते ३५ अंश आनी उण्यांत उणें तापमान २४ ते २५ अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

Sports – 80

69वे राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्ती खातीर गोंय राज्याचो अंडर-17 चले आनी अंडर-17 चलयांचो क्रिकेट पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चांचणीचे आयोजन केला.